# **अवजड वाहनांच्या प्रवेशाचेर निर्बंध**

ता. 15 नोव्हेंबर 2024

उत्तर गोंय जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्यान पर्वरी हांगा राष्ट्रीय म्हामार्ग 66 चेर अवजड वाहनांच्या प्रवेशाचेर बंदी लागू केल्या आनी उड्डाण पुलाचे काम पुराय जाय मेरेन ही बंदी लागू आसतली.

बांदा वटेच्यान येवपी आनी पेडणे, बार्देस, तिसवाडी वटेन वचपी ट्रेलर, कंटेनर सारख्या अवजड म्हाल येरादारी वाहनांनी सकाळी 6.00 ते रातची 10.00 मेरेन पत्रादेवी, सक्राळ, तोर्से, तांबोसे, उगें आनी रेडकर हॉस्पिटला लागी थांबचे आनी रातची 10.00 ते सकाळी 6.00 वरां मजगती येरादारी करची. अशा वाहनांनी मेरशे जंक्शना कडल्यान बाणस्तारी/कुठ्ठाळी वटेन येरादारी करची.

अन्नधान्य, भाज्यो, नाशवंत वस्तू सारख्या अत्यावश्यक म्हालाची येरादारी करपी अवजड वाहनांनी रस्त्यार कमी येरादारी आसपी वेळेत म्हणजे सकाळी 11.00 ते दनपारां 12.30, 2.30 ते सांजेची 4.00 आनी रातच्या 8.30 उपरांत पर्वरे/मेरशे वटेनच्यान पणजे वटेन येवचे.

पिळर्ण उद्देगीक वसणूकेतल्यान ये-वच करपी अवजड वाहनांनी सकाळी 6.00 ते रातची 10.00 मेरेन पर्वरी रस्त्याचो वापर करचो न्हय. ह्या वाहनांनी साळगांव जंक्शना कडल्यान म्हापशें/ग्रीनपार्क जंक्शना सावन फुडें येरादारी करची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/644

--
----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.